**मुख्य सचिवान राज्यांतल्या एलपीजी सिलिंडर पुरवणेंचो नियाळ घेतलो**

ता. 12 मार्च 2026

मुख्य सचीव डॉ. व्ही. कांदवेलू हांणी आयज आयोसीएल, एचपीसीएल आनी बीपीसीएल तेल कंपन्यांचे प्रतिनिधी आनी राज्य सरकाराच्या वरिश्ठ अधिकाऱ्यांची बसका घेवन राज्यांतल्या एलपीजी सिलिंडर पुरवणेंच्या परिस्थितीचो नियाळ घेतलो. राज्यांत एलपीजी सिलिंडर पुरवण परिस्थिती बरी आसा आनी एलपीजी सिलिंडर सांठो भरपूर आशिल्ल्यान घरगुती गिरायकांनी एलपीजी सिलिंडर पुरवणें खातीर भिवपाची गरज ना, अशें बसकेत सांगलें.

बसकेक नागरी पुरवण सचीव संजीव गडकर, आयजीपी के. आर. चौरासिया, उत्तर गोंय जिल्हाधिकारी अंकित यादव, दक्षीण गोंय जिल्हाधिकारी इग्ना क्लिटस, नागरी पुरवण संचालक जयंत तारी आनी हेर अधिकारी उपस्थित आशिल्लें.

एलपीजी सिलिंडर पुरवणें विशीं लोकांमदी भंय आनी हुस्को निर्माण जावचो न्हय हे खातीर जिल्हाधिकारी, तालुका उप जिल्हाधिकारी आनी संबंदीत अधिकाऱ्यांनी एलपीजी सिलिंडर पुरवणेंचेर लक्ष दवरून लोकांक खऱ्या परिस्थितीची म्हायती दिवपाक सांगलें. तशेंच घरगुती गिरायकांक वेवस्थित गॅस सिलिंडर पुरवण करपा खातीर जिल्ह्यांच्या पुलीस अधिक्षकांनी तेल कंपन्यांक आवश्यक सहकार्य करपाक सांगलें.

तेल कंपन्यांच्या प्रतिनिधींनी उपलब्ध गॅस सिलिंडर सांठो, पुरवण आनी राज्यांत गॅस सिलिंडर पुरवणेंत उणाव जावचो न्हय हे खातीर केल्ल्या उपायांची म्हायती बसकेत दिली.

म्हा /सप/ / विगां/ 2026/174

--

---

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.